**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं युट्युबर्स कॉन्क्लेव्हचें उक्तावण**

ता. 31 ऑगस्ट 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आयज पणजे "युट्यूबिंगवरवीं विकासाचे वर्णन: आव्हानां आनी संधी" ह्या विशयाचेर आयोजीत दोन दिसांच्या युट्युबर्स कॉन्क्लेव्हचें उक्तावण जाले. रामभाऊ म्हाळगी प्रबोधिनीन गोंय सरकारच्या सहकार्यान ह्या कॉन्क्लेव्हचें आयोजन केला. ह्या कॉन्क्लेव्हांत देशभरातल्या युट्युबर्सांनी भाग घेतला.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी समाजात सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाखातीर युट्युबर्सांची भूमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचें सागून लोकांकडेन संपर्क सादपाची तांची क्षमता आनी खास करून धोरण, तंत्रज्ञान, शासन, विकास आनी साधनसुविधा ह्या सारख्या क्षेत्रांत अभिप्राय दिवपाच्या तांच्या प्रयत्नांची तोखणाय केली. डॉ. सावंत हांणी पणजी शाराचे सोलर सिटीत रूपांतर करपाची म्हत्त्वाकांक्षी येवजण आशिल्ल्याचेंय सांगलें.

भारतीय सांस्कृतिक संबंद परिशदेचे अध्यक्ष आनी रामभाऊ म्हाळगी प्रबोधिनीचे उपाध्यक्ष डॉ. विनय सहस्रबुद्धे हांणी म्हायती आनी मोलावणी वरवीं समाज प्रबोधनाचे म्हत्त्व सांगलें. प्रबोधनाचे कार्य सुरू केल्लेबद्दल तांणी युट्युबर्सांची तोखणाय केली आनी कॉन्क्लेव्हचें आयोजन करपाक सहकार्य केल्ले खातीर गोंय सरकारचे उपकार मानले.

उक्तावणाच्या कार्यक्रमाक रामभाऊ म्हाळगी प्रबोधिनीचे कार्यकारी संचालक डॉ. जयंत कुलकर्णी, तंत्रज्ञान वेवसायिक आनी सोशल मीडिया इंटिग्रेटर श्री अजिंक्य कुलकर्णी, ईएसजी च्यो सीईओ श्रीमती अंकिता मिश्रा आनी हेरांची उपस्थिती आशिल्ली.

ह्या कॉन्क्लेव्हांत देशभरातल्या युट्युबर्सांनी भाग घेतला. गोंयची युट्यूबर सावनी शेट्ये ही लेगीत कॉन्क्लेव्हांत सहभागी जाल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/682

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.